# होम क्वॉरंटान करपाविशीं मार्गदर्शक तत्वां

ता. 19 मे 2020

केंद्र सरकाराच्या भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान कोवीड-19 च्या फाटभुंयेर होम क्वॉरंटायन करपाविशीं मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यात. कोरोनाचो संसर्ग आशिल्ल्या मनशाच्या संपर्कात येवपी, कंटेनमेन्ट वाठारांतल्यान प्रवास करून आयिल्ली व्यक्ती, कोवीड-19 संसर्ग आशिल्ल्या वाठारांतल्यान येवपी मनशाक, कोवीड दुयेंती आशिल्ल्या घरात रावपी, कोवीड दुयेंतीच्या सरळ संपर्कात आयिल्ली व्यक्ती, कोवीड-19 दुयेंती आशिल्ल्या वातावरणात रावपी वा एक मिटराच्या अंतराभितर कोवीड दुयेंतीच्या समोरा समोर आयिल्ल्या मनशाक होम क्वॉरंटान जावपाची गरज आसा.

होम क्वॉरंटायन मनशान हवा घोळपी आनी खास करून जोडून वा वेगळो टॉयलेट आशिल्ल्या कुडीत रावपाक जाय. जर त्याच कुडीत कुटुंबातल्या सदस्याक रावपाक पडत आसत जाल्यार दोगांय मनशामदी कमीत कमी एक मिटर अंतर राखपाक जाय. होम क्वॉरंटायन मनशान घरातलो जाण्टो मनीस, गुरवार बायल, भुरगीं आनी कसलेय दुयेंस आशिल्ल्या मनशापासून पयस रावपाक जाय. ताचो/तीचो वावर घरातच आसचो. खंयच्याच परिस्थितीत ताणे/तीणे लग्न, मरणाचो विधी अशा खंयच्याच सामाजीक/धार्मिक कार्यक्रमाक हजर रावचे न्हय.

तशेंच तांणी साबणान वा सॅनिटायजरान परत परत हात धुंवपाक जाय. आपले जेवणाचे ताट, उदक पिवपाचो ग्लास, कप, जेवणाची हेर आयदनां, टॉव्हेल, हातरूण आनी हेर वस्तूं घरातल्या हेर मनशाकडेन अदलाबदल करच्यो न्हय. सगळो वेळ सर्जिकल मास्क घालचो. प्रत्येक 6 ते 8 वरांनी मास्क बदलचो आनी ताची योग्य तरेन व्हिलेवाट लावची. डिस्पोजेबल मास्क परत वापरचे न्हय. दुयेंतीची काळजी घेवपी, आनी लागीचो संपर्क आयिल्ल्या मनशान वापरिल्ल्या मास्काचेर जंतूनाशकांची फवारणी करून वा सोडिएम हायड्रोक्लोरायट सोलुशनात बुडोवन व्हिलेवाट लावची. वापरिल्लो मास्क हो दुशीत समजूचो. जर खोकली, ताप वा श्वास घेवपाक त्रास जाता आसत जाल्यार लागीच्या भलायकी केंद्रात वा 011-23978046 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

कुटुंबातल्या फकत एकाच सदस्यान होम क्वॉरंटायन मनशाची काळजी घेपाचे काम करचे. मळके आनी व्हले कपडे फाफुडपाचे आनी आंगाच्या कातीकडेन संपर्क येवपाचे टाळचे. जमीन नितळ करतना वा मळके कपडे हाताळटना डिस्पोजेबल ग्लोज वापरचे, ग्लोज काडले उपरांत हात धुवचे. भेट दिवप्यांक घेवचे न्हय. होम क्वॉरंटायन मनीस सिम्पटोमेटीक आसल्यार ताच्या संपर्कात आयिल्ल्या सगळ्यां मनशांक 14 दीस आनी उपरांत आनीक 14 दीस वा रिपोर्ट नेगेटिव्ह ये मेरेन होम क्वॉरंटायन जावपाची गरज आसा.

होम क्वॉरंटायन मनशाच्या कुडीत सदाच नितळसाण दवरची. सोडिएम हायड्रोक्लोरायट सोलुशनान टेबल, खुर्ची, खाटीची फ्रेम आनी हेर वस्तूं पुसून काडच्यों. टॉयलेट नितळ दवरचो. वापरिल्ले कपडे वेगळे डिटरजंटान धुंवचे आनी बरे तरेन सुकोवचे.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/270

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA